# 12 ते 14 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांक कोरबेवॅक्स वासीन

ता. 15 मार्च 2022

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाच्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण गोंय राज्यांत फाल्या ता. 16 मार्च 2022 दिसा सावन 12 ते 14 वर्सां पिराय गटातल्या भुरग्यांक कोरबेवॅक्स वासीन दिवपाक सुरवात जातली.

28 दिसांच्या अंतरान भुरग्यांक वासिनाचे दोन डोज दितलें. शाळां सुरू जाल्ल्यान वयल्या पिरायेच्या भुरग्यांक ह्या वासिनाचे कोवीडापासून संरक्षण मेळटलें. पालकांनी आपल्या भुरग्यांक हे वासीन करून घेवचे, अशें भलायकी सेवा खात्यान मागला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/176

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji